## संवसारीक पर्यावरण दिसा 'हरित गोंय, नितळ गोंय' चळवळीचो शुभारंभ

*हरित अभियानांतर्गत गोंयांत सुमार धा लाख झाडां लावपाचो संकल्प*

ता. 5 जून 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज संवसारीक पर्यावरण दिसा 'हरित गोंय, नितळ गोंय' चळवळीचो शुभारंभ केलो. ह्या अभियाना खाला पत्रादेवी ते पोळे राष्ट्रीय म्हामार्गा कुशीक आनी हेर सुवातांनी धा लाख झाडां लावन ह्या म्हामार्गाचे ग्रीन कॉरिडॉरात रूपांतर करपात येतले.

कार्यक्रमात उलयतना मुख्यमंत्र्यान शाश्वतताय, पर्यावरणीय संवर्धन आनी लोक सहभागाचेर भर दिवन गोंयच्या शाश्वत फुडाराखातीर पर्यावरणाचो सांबाळ आनी विकास एकाच बरोबर जावपाक जाय, अशें सांगलें. गोंयचो फुडार आमी आयज घेत आशिल्ल्या निर्णयांचेर निंबून आसा. ते खातीर हांव प्रत्येक नागरिका लागी मागती की, तांणी एक तरी झाड लावन ताची काळजी घेवन वाड करची आनी पर्यावरणाचो सांबाळ करपाक योगदान दिवचे. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 'एक पेड माँ के नाम' ह्या उपक्रमा पसून प्रेरणा घेवन लोकांनी ह्या अभियानात सहभागी जावचे, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंयच्या पर्यावरणीय संपत्तीचेर उजवाड घालतना मुख्यमंत्र्यान राज्यांत लागीलागी 68 टक्के हरित वाठांर आसून 25 पाणथळ सुवातो आनी 168 जलस्रोतां आसात, जाल्यार सरकार वनीकरण, खाजन जमिनीचे पुनरुज्जीवन, शाश्वत येरादीर आनी आधुनिक कोयर वेवस्थापन उपक्रमांचेर भर दिता, असें सांगलें. डॉ. सावंत हांणी नवीकरणीय ऊर्जा आनी शाश्वत येरादारी उपक्रमांचीय म्हायती दिली.

कार्यक्रमात पोस्टर, पर्यावरण प्रश्नमंजुषा , इको शेफ चॅम्पियनशिप, छायाचित्रण सर्तीच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली. तशेंच गोंय राज्य जैवविविधता मंडळाचे पुरस्कारय भेटयले. शाश्वत शेती वेवसायतल्या योगदाना खातीर प्रगतिशील शेतकरी श्री अक्षय पुरके आनी श्रीमती अमिता नाईक हांचो सत्कार केलो.

कार्यक्रमाक राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेट तानावडे; महसूल आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री आतानासिओ मॉनसेरात मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कंदवेलू, कुंभारजुआ मतदारसंघाचे आमदार श्री राजेश फळदेसाय, पणजीचे महापौर श्री रोहित मॉनसेरात सांताक्रूज मतदारसंघाचे आमदार श्री रुडॉल्फ फर्नांडिस; पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्याचे संचालक श्री सचीन एस. देसाया; श्री सरप्रीत सिंग गिल, आयएएस; गोंय राज्य प्रदूषण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. लेविन्सन जे. मार्टिन्स, आयएएस; श्री हरीश अडकोणकर, गोंय राज्य प्रदूषण नियंत्रण मंडळाच्यो सदस्य सचीव डॉ. गीता नागवेंकर; गोंय राज्य जैवविविधता मंडळाचे सदस्य सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम; प्रधान मुख्य अभियंता श्री संदीप चोडणेकर आनी हेर वरिष्ठ सरकारी अधिकारी, पर्यावरणवादी, विद्यार्थी, शेतकरी आनी नागरिक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/405

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.